PANAJI NATIONAL NEWS AT 8:40AM

DATE : 01-07-2025

1.अमित शाह : 200

केंद्रीय गृहमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाहान नवी दिल्लींत सगळ्या राज्यांच्या आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या सहकार मंत्र्यां वांगडा "मंथन बैथक" केलो. आंतरराष्ट्रीय सहकार वर्स (आयवायसी) 2025 मनोवपा खातीर ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या आनी मंथन बैथकाचो हेतू म्हळ्यार चालू आशिल्ल्या येवजण्यांचो नियाळ घेवप, येसस्वीपणांचें मुल्यांकन करप आनी भारतांत सहकारी चळवळ घटमूट करपा खातीर सहकार्याक चालना दिवपा खातीर एक गतीशील मंच दिवप. देशांत बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ली सहकार्याची परंपरा परतून सुरू करपाच्या हेतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सहकार मंत्रालयाची थापणूक केल्या आनी सध्याची नदरूय मतींत दवरून तांणी सांगलें. नरेंद्र मोदी सरकार सत्तेर आयले उपरांत देशांत समाजीक बदल आनी उदरगतीची नवी नदर उबी जाल्या. देशांतल्या दरेकल्याक रोजगार निर्माण करपा खातीर सहकार हो एकूच पर्याय अशें तांणी सांगलें. ह्या क्षेत्रांत व्हड संदी आशिल्ल्यान देशांतल्या लाखांनी ल्हान शेतकार आनी गांवगिऱ्या लोकांच्या कल्याणा खातीर संवेदनशीलतेन सहकार परतून सुरू करपाक जाय अशें श्री शाहान सांगलें. फुडल्या पांच वर्सांत देशांत एकूय गांव सहकारी संस्था नासतना आसचो न्हय आनी सहकारी डेटाबेसाचो उपेग करून हें ध्येय साध्य करपाक जाय अशें नरेंद्र मोदी सरकाराचें ध्येय आसा अशें तांणी सांगलें. दरेका राज्यांत त्रिभुवन सहकारी विद्यापिठा कडेन संबंदीत आशिल्ली एकूय तरी सहकारी प्रशिक्षण संस्था आसची अशेंय आवाहन केंद्रीय सहकार मंत्री हांणी केला. राष्ट्रीय सहकारी धोरणूय बेगीन जाहीर करतले, जें 2025 ते 2045 मेरेन लागू जातलें अशें तांणी सांगलें.राष्ट्रीय सहकारी धोरणांतल्यान त्या राज्याचे सहकारी परिस्थिती प्रमाण दरेका राज्याचें सहकारी धोरण तयार करतले आनी विशिश्ट उद्दिश्टां थारायतले अशें तांणी सांगलें. राज्य सहकारी मंत्र्यांनी कृशी मंत्र्यां वांगडा सैमीक शेतीक चालना दिवपाक वावुरचें, जाका लागून भौशीक भलायकी आनी ग्रहाचें बरेपण दोनूय सुनिश्चीत जातलें अशें तांणी सांगलें.

2. Sitharaman – 180

खाजगी गुंतवणूक ही भांडवल एकठांय करपाक, उत्पादकता आनी नवनिर्माण वाडोवपाक, तंत्रीक कार्यक्षमताय वापरपाक उत्प्रेरक शक्त आसा अशें केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. समावेशक आनी टिकावू अर्थीक वाड करपा खातीर ह्यो क्षमता गरजेच्यो आसात अशें तांणी सांगलें. काल स्पेनांतल्या सेव्हिलांत संयुक्त राश्ट्रांनी आयोजीत केल्ल्या चवथ्या आंतरराष्ट्रीय उदरगत अर्थीक परिशदेंत उलोवप करतना तांणी सांगलें, एफडीआय प्रवाहांत उतार-चढाव आनी संवसारीक अनिश्चितताय वाडत आशिल्ल्या काळांत खाजगी गुंतवणूक उदरगत अर्थीक पालवाचो म्हत्वाचो स्रोत म्हूण उबी जाल्या. खाजगी भांडवल प्रभावीपणान एकठांय करपा खातीर, घटमूट आंतरराष्ट्रीय सहकार आनी घटमूट घरगुती सुदारणांचो मेळ घालून बहुपक्षीय रणनितीची गरज आसा अशें तांणी  सांगलें.

अर्थमंत्र्यांनी सात धोरणात्मक क्षेत्रांचो उल्लेख केलो,तातूंत घटमूट देशी अर्थीक बाजारपेठ, जोखीम हाताळपा खातीर आनी गुंतवणूक संद वाडोवपा खातीर संस्थांनी सुदारणा, मिश्र अर्थीक उपलब्धताय हांचो आस्पाव जाता अशें तांणी सांगलें. घटमूट देशी अर्थीक बाजारपेठ ही गुंतवणूक करपाचो मुखेल आदार अशें तांणी सांगलें. मुळाव्या साधनसुविधा आनी उद्देगांक अर्थीक आदार दिवपा खातीर भारतान आपली बँकींग वेवस्था आनी भांडवल बाजारपेठ घटमूट करपाचे यत्न केल्यात अशें  सीतारामन हांणी सांगलें. देशाची नियामक चौकट बाजारांतल्या गरजे प्रमाण तयार केल्ली आसा,दीर्घकालीन अनुकूल गुंतवणूक वातावरणा खातीर गरजेचें संरक्षण आनी नवोपक्रम संतुलित करता अशें तांणी सांगलें.

3.–जयशंकर- क्वाड बसका

आयज अमेरिकेंतल्या वॉशिंग्टन डी.सी.ंत जावपी क्वाड परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेंत परराश्ट्र मंत्री डॉ. जयशंकर  अंदू 21 जानेवारीक वॉशिंग्टनांत जाल्ले परराश्ट्र

मंत्र्यांचे निमाणे बसकेंत जाल्ले चर्चेचेर क्वाड परराश्ट्र मंत्री उबारतले अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. प्रादेशिक आनी जागतीक घडामोडीं विशीं, खास करून भारत-पॅसिफिक संबंदीत घडामोडीं विशीं मतांचो आदान-प्रदान करतले आनी भारतान आयोजीत करपाच्या क्वाड लीडर्स शिखर सभेच्या आदल्या दिसा वेगवेगळ्या क्वाड उपक्रमांचेर जाल्ले प्रगतीचो नियाळ घेतले. मुक्त आनी उक्त्या भारत-पॅसिफिकाची वांटून घेतिल्ली नदर मुखार व्हरपाच्या हेतान नव्या प्रस्तावांचेरूय मंत्री चर्चा करतले अशें निवेदनांत म्हणलां.

अमेरिकेचो विदेश सचीव मार्को रुबियो हे बसकेक येजमानकी दितले आनी ऑस्ट्रेलियन परराश्ट्र मंत्री पेनी वोंग आनी जपानी परराश्ट्र मंत्री इवाया ताकेशीय हाजीर आसतले.

4. LPG GAS :50

आयज दिल्लींत 19 किलो वजनाच्या वेपारी एलपीजी सिलिंडराचो दर 58.50 रुपया उणो जालो. दिल्लींतल्या वेपारी एलपीजी गॅस सिलिंडराचें किरकोळ मोल आतां 1,665 रुपया जालां अशें इंडियन ऑयल कॉर्पोरेशन लिमिटेड (आयओसीएल) कंपनीन जाहीर केलां. मजगतीं, कोलकाताांत वेपारी एलपीजीचो दर 57 रुपया, मुंबयंत 58 रुपया आनी चेन्नयांत 57.50 रुपया उणो केला. देशांतल्या सिलिंडरांच्या दरांत कसलोच बदल जावंक ना.

5. दिल्ली - वाहन धोरण : 100

दिल्लींत 15 वर्सां परस पोरन्या पेट्रोल वाहनांक आनी 10 वर्सां परस पोरन्या डिझेल वाहनांक आयच्यान इंधन मेळचें ना. दिल्ली सरकारान आयुश्य सोंपपी वाहनांक इंधन दिवपाचेर बंदी घालपा खातीर मानक संचालन प्रक्रिया (एसओपी) जारी केल्ली आनी अशा वाहनां संबंदीत नाका जाल्ल्या सगळ्या इंधन वेव्हाराचो

लॉग सांबाळपाचो आदेश पेट्रोल पंपांक दिल्लो. संपीडित सैमीक वायू (सीएनजी) वाहनांक स्टेशनाचेर इंधन नाका म्हणचें ना अशें एसओपींत म्हणलां. राष्ट्रीय राजधानींतल्या सगळ्या पेट्रोल पंपांक थारायिल्ली पिराय पुराय केल्ल्या वाहनांक पेट्रोल आनी डिझेल पुरवण करची न्हय अशें हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोगान निर्देश दिला. पाळो नाशिल्ल्या, काळांतरान गेल्ल्या वाहनांक इंधन मेळपाचेर मर्यादा घालून हवेचो दर्जो सुदारपाचो हे निर्णयाचो हेतू आसा.

6. IMD : 110

भारत हवामान खात्यान फुडले पांच ते स दीस वायव्य, मध्य आनी उदेंत भारतांतल्या जायत्या वाठारांनी सक्रीय पावसाची परिस्थिती चालू उरतली असो अदमास काडला. अस्तंत उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, बिहार, छत्तीसगड, मध्य प्रदेश आनी ओडिशा हांचेर आयज एकसुरे सुवातेर पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हरियाणा, पंजाब, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, उदेंत राजस्थान, गुजरात राज्य, झारखंड हांचेर आयज एकसुरे सुवातेर पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.
कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांचेर अशीच परिस्थिती हवामान खात्यान उक्तायल्या. तशेंच बिहार, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश आनी जम्मू-काश्मीर, लद्दाख आनी मुझफ्फरबाद हांचेर एकसुरे सुवातेर वीज पडपा वांगडा गडगड आनी वादळ पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

7. UTTARAKHAND RAIN:

फाटले तीन दीस चालू आशिल्लो पावस आयज उणो जाला. पावस थांबिल्ल्यान वेगवेगळे वाठारांतले रस्ते नेटान निवळ करपाचें काम सुरू आसा आनी इबाडिल्ल्या रस्त्यांची दुरुस्ती पुराय नेटान सुरू आसा. राज्यांतले शंबरां परस चड ग्रामीण लिंक रस्ते अजूनय भूंयकांपाक लागून बंद आसात.

राज्यांतल्या मुखेल न्हंयांची उदकाची पातळी वाडल्या. संवेदनशील वाठारांचेर अधिकार् यांनी बारीक नदर दवरल्या. ऋषिकेशांत गंगा न्हंयची उदकाची पातळी वाडत आशिल्ल्यान एसडीआरएफ आनी पुलीस पंगड लोकांक सुरक्षीत सुवातेर रावपाचें आवाहन करतात.
मजगतीं, उत्तरकाशी, देहरादून, तहरी, पौरी, रुद्रप्रयाग, नैनीताल आनी बागेश्वर जिल्हयांतल्या कांय वाठारांनी फुडले दोन दीस व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो अशें हवामान खात्यान ऑरेंज अलर्ट जारी केला. हेर वाठारां खातीर हळडुवो इशारो जारी केला, जाल्यार थंयच्या रहिवाशांनी सामान्य जतनाय घेवपाची सल्ला दिल्या.

8. हिमाचल प्रदेश

नैऋत्य पावसाच्या सक्रिय टप्प्याक लागून हिमाचल प्रदेशांतल्या सामान्य जिणेचेर खूब परिणाम जाला. मेघ फुटप, भूंयकांप, उदक भरप आनी व्हड पावस हाका लागून राज्यांतल्या जायत्या जिल्हयांतल्या दिसपट्ट्या जिणेंत आडमेळीं आयल्यात. न्हंयो आनी व्हाळ पुराय वेगान व्हांवतात. मजगतीं, शिमला हांगाच्या हवामान केंद्रान 6 जुलय मेरेन राज्यांतल्या चडशा वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शिटकावणी दिल्या.खात्यान थळाव्या प्रशासनांक सादूर रावपाचो उलो मारला आनी लोकांक सावधान रावपाचो उलो मारला.

9.Cricket – 75

क्रिकेटांत आयज इंग्लंडांतल्या ब्रिस्टल शारांतल्या काउंटी मैदानाचेर बायलांच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय सर्तीच्या पांच मॅचींच्या माळेंतल्या दुसऱ्या मॅचींत भारत इंग्लंडा आड खेळटलो. ताचे आदीं नॉटिंघमच्या ट्रेंट ब्रिजांत जाल्ल्या मालिकेच्या पयल्या मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 97 धांवड्यांनी हारयलो आनी 1- शून्य आघाडी घेतली.

भारतीय पंगडांन निर्धारित 20 ओव्हरींनी 5 बाद 210 धांवड्यो केल्यो. ताका जाप दितना इंग्लंडाक 14.5 ओव्हरींनी फक्त 113 धांवड्यो करप शक्य जाले. कर्णधार हरमनप्रीत कौर दुखापत जाल्ल्यान खेळपाक शकले ना पूण स्मृति मंधनान पंगडाचें फुडारपण केलें.